**REGIONAL 2 February 2025 7.20 PM**

**मुखेलमंत्री 115**

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे भाजपाचो नेटान प्रचार करतात. कोंकणी तशेंच मराठी भाशीक लोकां कडेन संवाद सादपा सयत तांणी भाजप उमेदवारांच्या रेलींतूय वांटो घेतलो.

दिल्लींत करोलबाग, राजेंद्रनगर वाठारांत मराठी तशेंच कोंकणी उलोवपी लोक आसात. ह्या वाठारात डॉ. सावंत हांणी भर दिला. आयतारा करोल बाग हांगा मराठा मित्र मंडळ आयोजीत मकर संक्राती कार्यावळीक तांणी हाजेरी लायली. ह्या वेळार आदले मंत्री डॉ. भागवत कराड तांचे सयत हाजीर आशिल्ले. मराठी भाशिकां कडेन तांणी संवाद सादलो.

आयतारा राती राजेंद्र नगर हांगच्या सरस्वती संस्कृती भवनात तांणी कोंकणी भाशिकां कडेन संवाद सादलो. हाचे पयलीं मोतीनगर मतदारसंघांत हरिश खुराणा हांचे प्रचारसभेक मुख्यमंत्र्यांनी संबोदीत केलें. दिल्लीची उदरगत तशेंच विकसीत दिल्ली खातीर भाजपाक मतदान कहो उलो डॉ. सावंत हांणी मारलो.

**वसंत पंचमी 90**

आयज देशभर वसंत पंचमीची परब मनयतात. हे परबे निमतान लोक, विद्या आनी प्रज्ञेची देवी सरस्वती कडेन प्रार्थना करतात. ह्या उत्सवाक वसंत ऋतूचेंय आगमन जाता - नवी सुरवात आनी सैमाची सोबीतकाय मनयपाचो हो काळ.

राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हे परबे निमतान लोकांक परबीं भेटयल्यां.

शिक्षण आनी गिन्याना कडेन संबंदीत आशिल्लो ही खोस पातळावपी परबे निमतान देशांतल्या सगळ्या नागरिकांक सुख, समृध्दी आनी बरी बुद्धी प्राप्त जावची अशी इत्सा राष्ट्रपती मुर्मू हांणी एका सोशल मिडियावेल्या पोस्टा वरवीं उक्तायली. ह्या दिसाच्या म्हत्वाचेर भर दिवन राष्ट्रपतीनीं संवसारांतलें गिन्यानाचें केंद्र म्हूण स्थापन जावचें अशेंय मागणें केलें.

**'हर कंठ में भारत' 135**

संस्कृती मंत्रालयान आकाशवाणीच्या सहकार्यान आयज नवी दिल्लीच्या आकाशवाणी भवनांत 'हर कंठ में भारत' ही खाशेली शास्त्रीय संगीत कार्यावळ सुरू केली.

ही कार्यावळ आयच्यान 16 फेब्रुवारी मेरेन दर दिसा सकाळीं 9:30 ते 10:30 वरां मेरेन 21 अखिल भारतीय रेडिओ केंद्रांचेर लायव्ह प्रसारीत जातली.

ह्या कार्यावळीचें उक्तावण संस्कृती मंत्रालयाचे सचीव अरुनीश चावला आनी प्रसार भारतीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी गौरव द्विवेदी हांणी केलें. अखिल भारतीय रेडिओचे महासंचालक डॉ. प्रज्ञा पालीवाल गौर ह्या हाजीर आशिल्ली.

'हर कंठ में भारत' ह्या उपक्रमाक लागून तरणाट्या कलाकारांक आपली प्रतिभा राष्ट्रा मुखार दाखोवपाची एक माची मेळटली अशें अरुनीश चावला हांणी सांगलें. ह्या कार्यावळींत सगल्या प्रकारच्या शास्त्रीय आनी लोकसंगीताचो आस्पाव जातलो अशी म्हायती तांणी दिली. हो संस्कृती मंत्रालयाचो एक आगळोच उपक्रम आसून ताका लागून कलाकारांकच न्हय तर आकाशवाणीचेय प्रेक्षक वाडोवपाक मजत जातली अशें डॉ. पालीवाल हांणीं सांगलें.

**वास्को 170**

वास्कोच्या संडे बाजारांतल्या तीन दुकानांक उजो लागून धा ते बारा लाख रुपयांचें लुकसाण जाले. वास्कोचे आमदार कृष्णा साळकार हांणी घडणुक सुवातेक भेट दिवन पळोवणी केली. संबंदीतांक मुख्यमंत्री निधींतल्यान अर्थीक मजत मेळटली अशें आश्वासन तांणी दिलें. मजगतीं, शार्ट सर्किटाक लागून हो उजो लागला आसूं येता असो अदमास आसा.

संडे बाजारांतल्या कांय दुकानांतल्यान रातीं धुंवर येता तें पळोवन कोणें तरी पुलिसांक, उजो पालोवपी दळाक, वीज खात्याक म्हायती दिली. ही म्हायती मेळटाच वास्को उजो पालोवपी दळ थंय पावलो. तांणी उजो नियंत्रणांत हाडलो. ताका लागून व्हड दुर्घटना टळली. ह्या उज्यांत रफीक, दीपक मिश्रा आनी रेश्मा हांच्या दुकांनातले सामान जळ्ळें. जाल्यार समैरुद्दीनाच्या दुकानांत कांय प्रमाणांत उजो लागलो आनी ताका लागून ताच्या दुकानांतले कपडे जळ्ळे. रफीकाचे सगळ्यांत चड लुकसाण जालें. ताणें दोन दिसां आदीं व्हड प्रमाणांत रेडिमेड कपडे विकपाक हाडिल्ले.

ह्या उज्यांत ते सगळे जळ्ळे. सुमार पांच लाख रुपयांचें लुकसाण जालां अशें तांणा सांगलें. ताच्या दुकाना लागीं चप्पल आनी बुटाचे दीपक मिश्रा हांचे दुकान आसा. हांतूत तांचेय सगळे सामान जळ्ळें.

रेश्मा हांच्या दुकानांतले कपडे जळ्ळे. ह्या घडणुकीत सुमार धा ते बारा लाख रुपयांचें लुकसाण जाल्ल्याचो अदमास आसा.

**Panjim 70**

इमेजीन पणजेच्या नांवान स्मार्ट सिटीचें काम गोंयच्या राजधानीच्या विंगड विंगड वाठरांनी सुरू आसा. मात आयज सकाळीं स्मार्टसिटीच्या कामा मजगतीं भाटल्यान उदकाचीं पायपां फुटून व्हडा प्रमाणांत उदकाची नासाडी जाली. धनलक्ष्मी बिल्डिंग आनी ताचे फाटल्या

वाठारांतल्या घरांनी उदक घुसलें. हाका लागून बरेंच लुकसाण जालें. हाका लागून हांगचे थळावे तिडकल्यात.

मजगतीं, नगरसेवकांनी हांगा येवन पळोवणीय केली. सध्या प्रशासनाच्या ह्या सगळ्या कामाक आनी ह्या कामां वरवीं जावपी त्रासांक लागून बरेच त्रास सोंसचे पडटात, अशें लोकांनी सांगलें.

**नवदिशा उत्सव 135**

आंबेशी पाळयेची नवदिशा संस्था आनी गोंय कला आनी संस्कृती संचालनालय हांच्या जोड पालवान तिसरो नवदिशा उत्सव २०२५, ७, ८, आनी ९ फेब्रुवारी २०२५ दिसा जातलो. हो नवदिशा उत्सव आंबेशी पाळीच्या श्री लक्ष्मीनारायण देवस्थानाच्या सभाघरांत तीन दीस चलतलो.नवरंग उत्सवांचें उक्तावण ७ फेब्रुवारीक सकाळच्या णव वरांचेर प्राध्यापिका तशेंच समाज वावुरपी सौ.सुलक्षणा सावंत हांचे हस्तूकीं जातलें.नवरंग उत्सवांचें उक्तावण जाल्याउपरांत पयल्या दिसा सत्ता पयलीं ते चवथी मेरेनच्या शालेय विध्यार्थ्यांखातीर बाल महोत्सव जातलो .विध्यार्थ्यांखातीर विवीध शिक्षणीक उपेगी विशयांचेर कार्यशाळा तशेंच मार्गदर्शन जातलें. सांजवेळां नामनेच्या फुगडी पंगडांवतीन फुगडी महोत्सव जातलो.तातूंत गोंयच्या तरेकवार फुगड्यांचें सादरीकरण जातलें. दुसर्या दिसा,८ फेब्रुवारी क फेटे बांदणी, नववारी साडी न्हेसवण, पाककला, ओवी गावप, घुमट आरती, तशेंच रांगोळी घालप कार्यशाळा जातल्यो. उपरांत घुमट रंग हें कार्यावळींत घुमट आरती मंडळांवतीन घुमट आरती सादरीकरण जातलें.नवरंग उत्सवाच्या दुसरे

दिसा, महिला महोत्सव,लोकनाच आनी जागरोत्सव जाल्या उपरांत इनामां वांटप आनी समारोपाचो सुवाळो जातलो.

## फुटबॉल 25

झारखंडांतल्या जमशेदपूरांत जावपी इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तींत आयज जमशेदपूर एफसीचो खेळ एफसी गोवा आड जातलो. हो खेळ सांजेच्या साडे सात वरांचेर सुरू जातलो.

## ईएनटी तपासणी शिबीर - दुर्गाप्रसाद पै 150

ताळवळी फोंडेंच्या मातृछायेच्या बाल कल्याण आश्रमांत लायन्स क्लब ऑफ फोंडा वतीन फुकट ईएनटी (कान, नाक आनी गळो) तपासणी शिबिर आयोजीत केल्लें.

ह्या शिबिराचें मार्गदर्शन फोंडेचे वरिश्ठ ईएनटी तज्ञ डॉ. लक्ष्मीकांत नायक हांणी केलें. ह्या वेळार बालव कल्याण आश्रमाच्या सुमार 46 निवासी विद्यार्थ्यांची भलायकी तपासणी केली. उक्तावण सुवाळ्याक बालाकल्याण आश्रमाचे अध्यक्ष आनी लायन्स क्लब फोंडाचे वरिश्ठ वांगडी सागर साकोरडेकार , डॉ. लक्ष्मीकांत नायक, डॉ. मिखेल नायक, लायन्स क्लब ऑफ फोंडाचे अध्यक्ष मनीष धारेश्वर, बालकृष्ण शेळके आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. लक्ष्मीकांत नायक हांणी हाजीर आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक भलायकेची म्हायती दिवन नाक, कान, गळ्याची जतनाय कशी घेवची हाचेर मार्गदर्शन केलें. सागर साकोरडेकार हांणी वळख

करून दिली आनी आश्रमांत जावपी वेगवेगळ्या कार्यावळीं विशीं म्हायती दिली.

मनीष धारेश्वरान ह्या सूवाळयाक येवकार दिलो आनी बाळकृष्ण शेल्के हांणी उपकार मानपाचो प्रस्ताव मांडलो. ते उपरांत डॉ मिखेल नायक हांणी विद्‍यार्थ्यांची भलायकी तपासणी केली आनी डॉ लक्ष्मीकांत नायक हांणी ईएनटी परिक्षा करून विद्‍यार्थ्यांक फुकट वखदां दिली.